# PAPER-III
# KOKANI

**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) ___________________________
   (Name) ___________________________
2. (Signature) ___________________________
   (Name) ___________________________

OMR Sheet No. : ............................................
(To be filled by the Candidate)

Roll No. | | | | | | | | |
(In figures as per admission card)

Roll No.________________________________
(In words)

**D 8 5 1 3**

Time : **2 ½** hours] [Maximum Marks : **150**

Number of Pages in this Booklet : **12** | Number of Questions in this Booklet : **75**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of seventy five multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the Question Booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the circle as indicated below on the correct response against each item.
   **Example :** (A) (B) ● (D)
   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the **OMR Sheet given inside the Booklet only.** If you mark at any place other than in the circle in the OMR Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your Name, Roll Number, Phone Number or put any mark on any part of the OMR Sheet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, or use abusive language or employ any other unfair means such as change of response by scratching or using white fluid, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet and Original OMR Sheet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall. You are, however, allowed to carry duplicate copy of OMR Sheet on conclusion of examination.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is no negative marks for incorrect answers.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. इस पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए ।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचहत्तर बहुविकल्पीय प्रश्न हैं ।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी । पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे, जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें । खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें ।
   (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं । दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात् किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें । इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे । उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा ।**
   (iii) इस जाँच के बाद OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें ।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं । आपको सही उत्तर के वृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है ।
   **उदाहरण :** (A) (B) ● (D)
   जबकि (C) सही उत्तर है ।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पुस्तिका के अन्दर दिये गये OMR पत्रक पर ही** अंकित करने हैं । यदि आप OMR पत्रक पर दिये गये वृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिह्नांकित करते हैं, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा ।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें ।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें ।
8. यदि आप OMR पत्रक पर नियत स्थान के अलावा अपना नाम, रोल नम्बर, फोन नम्बर या कोई भी ऐसा चिह्न जिससे आपकी पहचान हो सके, अंकित करते हैं अथवा अभद्र भाषा का प्रयोग करते हैं, या कोई अन्य अनुचित साधन का प्रयोग करते हैं, जैसे कि अंकित किये गये उत्तर को मिटाना या सफेद स्याही से बदलना तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित किये जा सकते हैं ।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर प्रश्न-पुस्तिका एवं मूल OMR पत्रक निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद उसे अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें । हालांकि आप परीक्षा समाप्ति पर OMR पत्रक की डुप्लीकेट प्रति अपने साथ ले जा सकते हैं ।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पेन का ही इस्तेमाल करें ।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है ।**
12. **गलत उत्तरों के लिए कोई नकारात्मक अंक नहीं हैं ।**

# कोंकणी

## प्रश्नपत्र – III

**सुचोवण्यो :** (i) ह्या प्रस्नपत्रांत **पंच्याहत्तर (75)** भौपर्यायी जापेचे प्रस्न आसात.

(ii) **सगळ्या** प्रस्नांच्यो जापो बरोंवच्यो.

(iii) दर एका प्रस्नांचे सारके जापेक **दोन (2)** गूण दवरल्यात.

(iv) दर एका प्रस्नाची जाप तिचे कुशीक दिलल्या (A), (B), (C), (D) ह्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षराचेर कुरु करुन दिंवची.

**1.** मार्केज द पोंबाल हांणी कसलें फर्मान काडलें ?

(A) कोंकणीच्या मर्णाचें फर्मान.

(B) सगळ्या गोंयकारांनी क्रिस्तांव जावपाचें फर्मान.

(C) पाद्रींनी कोंकणी बेसबरी शिकपाक जाय हाचें फर्मान.

(D) गोंयातल्या कोंकणी लोकांनी क्रिस्तांव धर्म आपणावंक ना जाल्यार तांका मर्णाची ख्यास्त दिवपाचें फर्मान.

**2.** सकयल दिल्ली खंयची विधानां चूक आसात ?

(1) 2013 हे वर्सा गोंय विद्यापीठांत बाकीबाब बोरकार अध्यासनाचे वतीन विंगड विशयावेलीं व्याख्याना सुरु जालीं.

(2) 'भोगदंड' हे कादंबरीचो इंग्लेज भाशेंत अणकार जालां.

(3) कोंकणी भाशेक 'सरस्वती सम्मान' हो पुरस्कार पयले फावही 2005 त फावो जाला.

(4) नागेश करमली हे 14 व्या अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे अध्यक्ष आशिलमे.

(A) 1 आनी 4, 2

(B) 1 आनी 3, 2

(C) 1 आनी 3, 4

(D) 2 आनी 3, 4

**3.** 'गोड्ड्या रामायणांत' कितली कांडा आसात ?

(A) स कांडां

(B) आठ कांडां

(C) पांच कांडां

(D) सोळा कांडां

**4.** कृष्ण कपलानी आनो रविंद्र केळेकार हांणी अणकारुन आनी संवाद्न उजवाडायलेलें पुस्तक हांतलें खंयचें ?

(A) 'एका विचाराची जीवित्वकथा'

(B) 'सगळे मनीस भाव-भाव'

(C) 'ज्ञाननिधीच्या सान्निध्यात'

(D) 'आनी ताका मनशांत हाडले'

**5.** जी. कमलाम्मलीच्या 'पात्रपरितम्' हाची काणी म्हळ्यार

(A) भीष्मान आपल्या बापायक व्हेल्ले सोयरीगतीचो काणी.

(B) ययातीचें म्हातारपण ताच्या पुतान घेतील्लें ताची काणी.

(C) सुर्य देवान द्रौपदीक दिल्ल्या अक्षय पात्राची खबर सांगपो काणी.

(D) हें तिरूपती वेंकटचलपती हांचेर रचिलल्या कीतर्नाची काणी.

**6.** 'भांगराळे गोंय' ही कसली कार्यावळ ? तिचो मुखेली कोण ?

(A) कोंकणी लोकनाच - एडवीन डिसूझा

(B) कोंकणी संगीत - पूर्णानन्द च्यारी

(C) कोंकणी कांतारा - कॉज्मा फॅर्नांदीश

(D) कोंकणी मांडे - जेस् फॅर्नांदीश

**7.** केरळांतल्या रामायणाची पत म्हुण हांतल्या खंयच्या रामायणाकडेन पळयतात.

(A) शोभाने

(B) दशावतार

(C) गोड्डे रामायण

(D) रामायण भगती-कथा

8. ‘कोंकणी व्याकरण’ ह्या पुस्तकाचो प्रकाशक कोण ?

(A) गोवा कोंकणी अकादेमी

(B) कोंकणी अस्मिताय प्रकाशन

(C) कोंकणी भाशा मंडळ

(D) अपुरबाय प्रकाशन

9. ‘ताणें काम केलें जाल्यार ताका दुडू मेळटलो’ ह्या वाक्यातल्या उतरांच्या योग्य त्या जातीच्यो फावो त्यो जोडयो लायात.

| | |
|---|---|
| 1. ताणें | 5. जोड अव्यय |
| 2. जाल्यार | 6. नाम |
| 3. दुडू | 7. सर्वनाम |
| 4. मेळटलो | 8. क्रियापद |
| | 9. विशेशण |

(A) 1 – 7, 2 – 5, 3 – 6, 4 – 8

(B) 1 – 6, 2 – 5, 3 – 8, 4 – 9

(C) 1 – 5, 2 – 6, 3 – 8, 4 – 9

(D) 1 – 9, 2 – 6, 3 – 8, 4 – 5

10. ‘दिर्वे’ ह्या पत्राचो पयलो संपादक हांतूतलो कोण ?

(A) चार्लस् डी’सोजा

(B) लियो जॉन डी’सोजा

(C) देवाधीन लुवीस मस्कोरेन्हस

(D) देवाधीन फा. सिल्व्हेस्टर मिनेझिस

11. हांतूतल्या खंयच्या कविता संग्रहाचें बरप देवनागरी लिपये सांगातान रोमी लिपयेंतय केलां ?

(A) ‘भुंयफोड’

(B) ‘गोंया तुज्या मोगाखातीर’

(C) ‘किरवंट’

(D) ‘जायो-जुयो’

12. इ.स. 1945 उप्रांत तियात्राची सामकी अवतिकाय जाली हाचें कारण

(A) मुंबयत नाटकां आनी सिनेमा पकोवपाक लोक वचूंक लागले.

(B) सुशिक्षित समाजाची अभिरूची बदलली.

(C) मुंबयचे लोक आपणाल्या भाशे विशीं आनी प्रतिश्ठेविशीं चड जागरुक जाले.

(D) मुंबयतले सगळे तियात्रिश सुटके उप्रांत गोंयात येवन रावपाक लागले.

13. ‘धम्मपदाचो’ अणकार करतना सुरेश आमोणकारान आपणे लायिल्लया अर्थाची खात्री करून घेवपाक _____.

(A) पाली कोशाचो आदार घेतलो तसो, इंग्रजी, हिंदी, मराठी, गुजराती ह्या भासांतले अणकारूय पडटाळून पळयल्यात.

(B) संस्कृत कोशाच्या आदारान इंग्रजी आनी संस्कृत अणकार पडटाळून पळयल्यात.

(C) पयली इंग्लीश अणकार वाचलो आनी ताचोच कोंकणीत अणकार केलो.

(D) पाली साहित्याचो इतिहास वाचून तचिवेली पंडितांची मत्तां समजून घेतली.

14. ‘वाक्यं रसात्मकं काव्यम्’ अशें कोणें म्हळां ?

(A) मम्मट

(B) अभिनव गुप्त

(C) विश्वनाथ

(D) क्षेमेंन्द्र

15. चार्ल्ज फर्गुजन हागे कसल्या सिद्धांताचो सोद भास-विज्ञानाच्या मळार लायला ?

(A) वर्णनात्मक भासविज्ञान

(B) डायग्लॉसिया

(C) भाशीक सापेक्षताय

(D) व्युत्पादक भासविज्ञान

16. ‘काळजाची भरती’ हो काव्य झेलो हांतल्या कोणत्वो ?

(A) माया खरंगटे

(B) नीला तेलंग

(C) नूतन साखरदांडे

(D) हर्षा शेटये

17. उजवाडून येवपाच्या काळाप्रमाण ह्या नेमाळ्यांचो योग्य क्रम खंयचो ?

| | |
|---|---|
| 1. जाग | 5. पाक्षिक |
| 2. उर्देतेचें साळक | 6. म्हयन्याळें |
| 3. गोवापुरी | 7. दोन म्हयनाळें |
| 4. मित्र | 8. वसुकी |
| | 9. सप्तकी |

(A) 1 – 6, 2 – 7, 3 – 8, 4 – 9

(B) 1 – 6, 2 – 9, 3 – 5, 4 – 6

(C) 1 – 6, 2 – 8, 3 – 5, 4 – 7

(D) 1 – 6, 2 – 5, 3 – 7, 4 – 9

18. देवदत्त, नारायण, बुद्धेश हीं पात्रां पुंडलीक नायकाच्या खंयच्या नाटकांतलीं आसात ?

(A) ‘चित्र-स्वयंवर’

(B) ‘दिश्ट-दौलत’

(C) ‘परिक्रमा’

(D) ‘प्रेमजागोर’

19. ‘सर्जकाची आंतरकथा’ आनी ‘खातखुतल्यो’ हे निबंदाचे झेले हांतल्या कोणाचे आसात ?

(A) रवींद्र केळेकार आनी सीताकांत लाड

(B) रवींद्र केळेकार आनी दिलीप बोरकार

(C) रवींद्र केळेकार आनी पंडरीनाथ सुरसुरे

(D) रवींद्र केळेकार आनी तुकाराम शेट

20. हांतूतलो खंयचो शब्दालंकार तें वळखात

(A) उपमा

(B) दृष्टान्त

(C) उत्प्रेक्षा

(D) यमक

21. कथा आनी कथा-झेलो हांच्यो फावो त्यो जोड्यो खंयच्यो ?

| | |
|---|---|
| 1. पिशाची बायल | 5. अंतर आयामी |
| 2. तो पिसो | 6. गर्जन |
| 3. मोना | 7. जंय वता थंय |
| 4. रूपडें | 8. नबत |
| | 9. रुद्र |

(A) 1 – 5, 2 – 6, 3 – 7, 4 – 8

(B) 1 – 6, 2 – 5, 3 – 7, 4 – 9

(C) 1 – 8, 2 – 7, 3 – 9, 4 – 6

(D) 1 – 8, 2 – 9, 3 – 6, 4 – 7

22. इ.स. 1882 ह्या वर्सा कोंकणीचें व्याकरण इंग्लेज भाशेंत रचपी हांतलो कोण ?

(A) फादर थॉमस स्टीफन

(B) मो. सेबेश्तियांव दाल्गाद

(C) शणै गोंयबाब

(D) फादर माफै

23. सकयल दिल्या पुस्तकांच्या उजवाडावणी वर्साप्रमाण योग्य क्रम खंयचो तें वेंचात.

(A) समिधा, तथागत, नवी शाळा, सर्जकाची, आंतरकथा, कषाय मधुर

(B) नवी शाळा, समिधा, तथागत, सर्जकाची आंतरकथा, कषाय मधुर

(C) नवी शाळा, समिधा, सर्जकाची आंतरकथा, कषाय-मधुर, तथागत

(D) समिधा, तथागत, नवी शाळा, सर्जकाची आंतरकथा, कषाय मधुर

**24.** अर्थ-विचारांतली सगळ्यांत अर्विल्ली पद्धत म्हळ्यार _______.

(A) घटक विस्फटावणी

(B) स्वन विस्फटावणी

(C) रूपीम विस्फटावणी

(D) शब्द विस्फटावणी

**25.** ह्यो वळी हांतल्या खंयच्या रचनेंतल्यो तें सांगात.

"कसलेंय जायना तूं फूल. हांव आपलो तुका दसवंतीचें फूल म्हणटलो तें म्हजे चड वळखीचें फूल. केन्नापासून फुर्लूक लागले गो तूं ? लावणी बी म्हळी मुगो तुवें ?"

(A) तुळशी

(B) मोगाचें लग्न

(C) जायू

(D) चित्रांगदा

**26.** अ.ना. म्हांबरो हांणी संपादन केल्लें पुस्तक हांतूतले खंयचें ?

(A) कोंकणी वेंचिक एकांकी

(B) समकालीन कोंकणी कथा

(C) स्वतंत्र गोंयातलो कोंकणी कथा

(D) समकालीन कोंकणी लघुकथा

**27.** खंयचे विधान बरोबर आसा तें सांगात.

(A) कर्तरी वाक्यांत कर्माच्या लिंग वचनाप्रमाण क्रियापद बदलता.

(B) कर्तरी वाक्य कर्त्याबगर आसूं शकता.

(C) कर्तरी वाक्य कर्माबगर आसूं थेता.

(D) कर्मणी वाक्य कर्माबगर आसू येता.

**28.** 'चित्रापूर वैभव' हें नाटक हांतल्या खंयच्या जोडयेन बरयलां ?

(A) एम्.के. राव आनी उमानाथ डोंगर केरी

(B) नरहरी भट्ट कल्याणपूर आनी बैंदूर देवराय अय्यगळ

(C) प्रभाकर आनंदराव मुदूर आनी एम्.के. राव

(D) सुरकुंद अण्णाजीराव आनी पांडुरंग सीताराम तलगेरी

**29.** 'किरप' ह्या उतराचो अर्थ यार ______

(A) कालवां आसतात ती शिंप

(B) बारीक सुंगटां

(C) भुरग्यांक जाता ती किरी

(D) कृपा ह्या उतराचो अपभ्रंश

**30.** मंगळूरांतल्या चित्रापूर-सारस्वतांच्या बोलयांचो अभ्यास खंयच्या प्रकल्पातंर्गत जाला ?

(A) सर्वे ऑफ इंडीयन डायलेक्टस हांतूतल्या कोंकणी ऑफ कैनरांत.

(B) कोंकणी बोलयांचो इतिहास ह्या प्रकल्पांत

(C) कोंकणी ऑफ साउथ कॅनरा : सर्व्हे ऑफ मराठी डायलेक्टस हांतूत

(D) कोंकणी बोलयो : एक भासविज्ञानिक नियाळ ह्या प्रकल्पांत

**31.** अस्तमतेकडले सिद्धान्त आनी सिद्धान्तीक हांच्यो फावो त्यो जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | अस्तित्ववाद | 5. | अर्विग बेबीट |
| 2. | स्वच्छंदतावाद | 6. | मैथ्यू आर्नोल्ड |
| 3. | नवमानवतावाद | 7. | ज्यां पौल सार्त्र |
| 4. | प्रतीकवाद | 8. | डब्ल्यू.बी. येटस् |
| | | 9. | विलियम वर्डस्वर्थ |

(A) 1 – 7, 2 – 9, 3 – 5, 4 – 8

(B) 1 – 5, 2 – 9, 3 – 6, 4 – 8

(C) 1 – 6, 2 – 9, 3 – 7, 4 – 8

(D) 1 – 7, 2 – 9, 3 – 7, 4 – 5

**32.** आबे फारीय हांणी आपले विधेक घणघणीत उजवाडाची न्हीद म्हळ्या कित्याक तर

(A) तांच्या प्रभावान लोकांक घणघणीत न्हीद येताली.

(B) तांच्या विद्येच्या प्रभावान न्हीद पडूनय मनीस जागेपणी आशिल्या भशेन वावुरतालो.

(C) न्हीदेक लागून मनशामदलीं सुप्त इंद्रियां जागीं जातात.

(D) भूलविद्या म्हळ्यार न्हिद येवपाची विद्या.

**33.** सफयल दिल्ल्या मूर्त नामासावन जाल्लें अमूर्त नाम खंयचें ?

(A) मुखार

(B) इश्टागत

(C) खाडयो

(D) खोलाय

**34.** धातुआदल्या रूपाक कसलो प्रत्यय लागता ?

(A) चे

(B) आंव

(C) आय

(D) साव

**35.** 'रंगशिल्प' हें पुस्तक खंयच्या वर्सा उजवाडून आयलां ?

(A) इ.स. 2011

(B) इ.स. 2012

(C) इ.स. 2013

(D) इ.स. 2010

**36.** कृती आनी त्यो उजवाडावपी प्रकाशन संस्था हांच्यो फावो त्यो जोडयो खंयच्यो ?

| | |
|---|---|
| 1. तथागत | 5. अस्मिताय प्रकाशन |
| 2. दिका | 6. राजहंस वितरण |
| 3. गुणाजी | 7. जाग प्रकाशन |
| 4. स्वामी विवेकानंद | 8. अपुरबाय प्रकाशन |
| | 9. केदार प्रकाशन |

(A) 1 – 7, 2 – 6, 3 – 5, 4 – 9

(B) 1 – 6, 2 – 7, 3 – 5, 4 – 9

(C) 1 – 7, 2 – 5, 3 – 8, 4 – 6

(D) 1 – 6, 2 – 7, 3 – 9, 4 – 8

**37.** 'आयज रे धोलार पडली बडी' हांतूत

(A) रावणाचें प्रतीक घेवन कवीन फिरंगी सत्तेचेर बडी मारल्या.

(B) दुर्योधनाचें प्रतीक घेवन राजनीतीचेर बडी मारल्या.

(C) कंसाचे प्रतीक घेवन पुर्तुगेज सत्तेचेर बडी मारल्या.

(D) रामाचें प्रतीक घेवन फिरंगी सत्तेची म्हयमा सांगल्या.

**38.** 'माडावेलो कीर बाये, शेंपडी हालयता

सवाशीणी बायले, दोळे मोडिता'

लोकवेदांतलीही रचना हांतल्या खंयच्या प्रकारांत आसपावता ?

(A) होंवी

(B) जत

(C) फुगडी

(D) धालो

**39.** ‘कोंकणी भास आनी साहित्य हाचो इतिहास’ हो लेख हातल्या कोणे बरयला ?

(A) दो. ओलविन्यु गोमिश

(B) दो. मनोहरराय सरदेसाय

(C) दो. किरण बुडकुले

(D) दो. तानाजी हळर्णकार

**40.** एस.एम्. बोर्जीस हांणी शणै गोंयबाबाल्या खंयच्या पुस्तकाचो इंग्लेजींत अणकार केला ?

(A) कोंकणी भाशेचें जैत

(B) कोंकणी नादशास्त्र

(C) कोंकणीची व्याकरणी बांदावळ

(D) गोंयकाराली गोंयाभायली वसणूक

**41.** हांचेमदली खंयची साहित्यकृती कथाझेलो न्हय ?

(A) फौरेन जांवय

(B) ओली सांज

(C) निर्णय

(D) गोवमन

**42.** एक स्वनीम आपले शेजराच्या स्वनीमत्वो भेस आपणायता ते प्रक्रियेक किदें म्हणटात ?

(A) स्वनीमीकरण

(B) समीकरण

(C) अधिकरण

(D) सम्मीलिनीकरण

**43.** ‘बृहद्‌कथाश्लोक संग्रह’ हाचो बरोवपी हातलो कोण ?

(A) गुणाढ्य

(B) सुबन्धु

(C) बुधस्वामी

(D) पंडीत जगन्नाथ

**44.** अरूण साखरदांडे हांका साहित्य अकादमी पुरस्कारा वांगडा आनीक खंयचो पुरस्कार मेळ्ळा ?

(A) विमलाबाय पै. पुरस्कार

(B) जनगंगा पुरस्कार

(C) कला आनी संस्कृती संचालनालयाचो पुरस्कार

(D) अस्मिताय प्रतिष्ठान पुरस्कार

**45.** ‘विश्रान्तिजननं काले नाट्यमेतन्मया कृतम्’ अशें कोणे म्हटलां ?

(A) आनन्दवर्धन

(B) क्षेमेंद्र

(C) भामह

(D) भरत

**46.** कृती आनी साहित्यिक भोवमान हांच्यो फावोत्यो जोड्यो खंयच्यो ?

| | |
|---|---|
| 1. भुंयचाफी | 5. साहित्य अकादमीचो अणकार पुरस्कार |
| 2. भांगराचें सुकणें | 6. गोंय कला अकादमीचो पुरस्कार |
| 3. गैर्र | 7. सैमसंग इलेक्ट्रोनिक्साचो टागोर पुरस्कार |
| 4. ओली सांज | 8. साहित्य अकादमीचो उत्कृष्ट साहित्य पुरस्कार |
| | 9. टी.एम्.ए. पै साहित्य पुरस्कार |

(A) 1 – 7, 2 – 6, 3 – 5, 4 – 8

(B) 1 – 8, 2 – 5, 3 – 7, 4 – 6

(C) 1 – 6, 2 – 5, 3 – 4, 4 – 9

(D) 1 – 6, 2 – 7, 3 – 8, 4 – 9

**47.** उखलुंक पाटी तत्पर माथीं
रासवळ आखें एके पंगती
पेल्यांची आयल्याक भितर्यां

_______

वयर दिल्ल्या कवितेच्या चरणाची निमणी वळ हांतूतली खंयची ?

(A) अप्रुप गा घडलें कशें हें सांगचें ल्हाना सानां.

(B) सयी सतूंच्या रसांचो जसो सप्तम रुतु रंगला.

(C) घड्ये घड्ये दूख सावट सल्लां.

(D) मोगाळ दिव्या दाखय वाट.

**48.** "दुसऱ्याचे तकलेंत आमची एक प्रतिमा आमच्या करण्यांनी आमीं उबी करतात. ती भंगची न्हय म्हुण मागीर आमीच खुब्ब जतनाय घेवपाक लागतात ! होब्य मिथ्याचारुच !"

हो उतारो खंयच्या रचनेतलो आसा ?

(A) ओ थांबे

(B) कषाय मधुर

(C) घुस्पल्लें जानवें

(D) समिधा

**49.** 'ग्रांथिक मराठी भाषा आनी कोंकणी बोली' ह्या पुस्तकाचो बरोवपी हांतलो कोण ?

(A) वि.बा. प्रभुदेसाई

(B) अ.का. प्रियोळकर

(C) श्रीपाद रघुनाथ देसाई

(D) रौकी मिरांडा

**50.** पूर्विलल्या काळांतल्या सुर्वेच्या लिपयांक कसल्या नांवान वळखतात ?

(A) कुरवां लिपयो

(B) प्रतीक लिपयो

(C) चित्र लिपयो

(D) अक्षर लिपयो

**51.** सकयल्या वाक्याचो योग्य तो पर्याय वेंचात.
प्रमाण भाशेक लिपी आसता, हाच्या उरफाटे

(A) चउश्या बोलींक लिपी नासता.

(B) बोलयो व्याकरणाचेर निंबून नासतात.

(C) बोलयांचो वापर लोकवेदातच जाता.

(D) बोलीचें आकलन व्हड वाठारांत आसता.

**52.** बरोवपी आनी तांची बरपावळ हांच्यो फावो त्यो जोड्यो खंयच्यो ?

(A) फा. स्टीफन्स – एक भाशिक शब्दकोश, लॉरेंस अल्वारीस – कोंकणी पोर्तुगीज कोश, फा. दियोगु रिबैरु – कानारी पोर्तुगीज कोश

(B) फा. स्टीफन्स – एक भाशिक शब्दकोश, लॉरेंस अल्वारीस – कोंकणीचें व्याकरण, फा. दियोगु रिबैरु, कोंकणी पोर्तुगीज कोश

(C) फा. स्टीफन्स – कोंकणीचें व्याकरण, लॉरेंस अल्वारीस – एक भाशिक शब्दकोश, फा. दियोगु रिबैरु – कोंकणी पोर्तुगीज शब्दकोश

(D) फा. स्टीफन्स – पोर्तुगीज कोंकणी शब्दकोश, लॉरेंस अल्वारीस – कानारी – पोर्तुगीज शब्दकोश, फा. दिगोयु रिबैरु, कोंकणी एक भाशिक शब्दकोश

**53.** 'मर्णाचो घेर' कथा खंयच्या मूळ भाशेंतल्यान अणकारल्या ?

(A) असमिया

(B) सिंधी

(C) गुजराती

(D) बंगाली

**54.** 'Poetic Experience' ह्या उतराक पर्यायी उतर हांतलें खंयचे ?

(A) काव्यात्मक अणभव

(B) काव्यानुभूती

(C) काव्यात्म अनुभूती

(D) कलात्मक विश्वानुभूती

**55.** हांतूतली खंयची साहित्यिक रचना कादंबरी न्हय ?

(A) उबंतर

(B) समर्पण

(C) विशुती

(D) विराट

**56.** कथा आनी तांतुतलें पाय हांची सारकी जोडी खंयची ?

(A) झबाझब-झबाझब – रंगा

(B) वक्ल फुटलें – लवू

(C) उपकार – रामगो

(D) आवय – रघलो

**57.** मधुसूदन जोशी हाणें निबंदाशिवाय आनीक खंयच्या तरेच्या साहित्य प्रकारांत लेखन केलां ?

(A) नवलिका

(B) कथा

(C) आपजीण

(D) एकांकी

**58.** कविता झेलो आनी कवी हांची चुकीची जोडी सांगात.

(A) पांयजेल – सु.म. तडकोड

(B) अनार्य – नरेंद्र बोडके

(C) सुख-दुख – अन्वेषा सिंगबाळ

(D) पावस फुलां – राजय पवार

**59.** जातंतु खंयचेंच पद मुखेल नासता आनी त्या समासिक उतराचो अर्थ वेगळोच जाता तेन्ना

(A) थंय कर्मधारय समास जाता

(B) द्विगु समास आसता

(C) अव्ययीभाव समास जाता

(D) बहुव्रीहि समास आसता

**60.** पोर्तुगीज राजवटीन गोंय आपल्या शेकातला घेवपाचो हांतलो खंयचो क्रम सारको आसा ?

(A) बार्देस, तिसवाडी, साश्ट, सत्तर

(B) मुरगांव, साश्ट,बार्देस, पेडणें

(C) तिसवाडी, बार्देस, साश्ट, सत्तर

(D) तिसवाडी, मुरगांव, सत्तर, बर्दिस

**61.** 'दक्षिण केरळ कुणबी महाजन सभा' ह्या संस्थेची थापणूक हांतल्या कोणे केल्या ?

(A) पुरुषोत्तम मल्ल्या

(B) आचार्य के.के. रामु

(C) प्रो. आर.के. राव

(D) श्री पि.जि. कामथ

**62.** हांतले खंयचे पुस्तक स्वामी सुप्रिय हांणी बरयलां ?

(A) धर्मीक गीतां

(B) मिसाल

(C) बायबलाचो भक्तिमार्ग

(D) सारस्वत कीर्तनमाला

**63.** हांतूतलें खंयचें उत्तर शुद्धलेखनाच्या नदरेन बरोबर आसा ?

(A) दीवली

(B) दिवली

(C) दीवलि

(D) दीव्हली

**64.** सूरज सदानंद नाडकर्णी, वासुदेव यशवन्त दिवकार, अमृत गायतोंडे, गजानन च्यारी ही नांवां हातल्या कोणाली ?

(A) प्रकाशक

(B) वितरक

(C) मुद्रक

(D) चित्रकार

**65.** 'वाचन म्हळ्यार ज्ञानाच्या मंदिराचो दरवटो, उलोवपान फकत आमी एकमेकांचे विचार, कल्पना एकमेकांक कळयत आसतात' भाशे संबंदीचे हे विचार हांतल्या कोणे परगटायल्यात ?

(A) प्रा. सुमन्त केळेकार

(B) शणै गोंयबाब

(C) डॉ. माधवी सरदेसाय

(D) डॉ. मैथ्यू आल्मैदा

**66.** पाद्र मोइझिन्यु आताईत हांतल्या खंयच्या नेमाळ्याचे संपादक जावन आसात ?

(A) उदेंतेचे नकेत्र

(B) सोद

(C) दाल्मादाचो संदेश

(D) भुरग्यांलो गुलाब

**67.** "हांव धरा गेल्लो आसतना ही खबर तुवें म्हाका कित्याक कळयली ना ? अशें राकेशान प्रिथुक विचारलें" ह्या वाक्यातलें काळवाचक क्रियाविशेशण हांतलें खंयचें ?

(A) गेल्लो आसतना

(B) म्हाका कित्याक

(C) कळयली ना

(D) विचारलें

**68.** विलियस लैबव हे एक _______

(A) फ्रेंच भासविज्ञानीक आशिल्ले.

(B) जर्मन भासविज्ञानीक जावन गेले.

(C) ग्रीक भासविज्ञानीक आसात.

(D) अमेरीकन भासविज्ञानीक आशिल्ले.

**69.** हांतुतले खंयचें हुमाणे न्हय ते सांगात

(A) भट बुडटा शेंडी बता.

(B) पयली देव मागीर जेव.

(C) इल्लीशी चिचूबाय, भाजून भाजून तोंडाक लाय.

(D) इल्लोसो पोर, घर राखूंक थोर

**70.** हांतुतलें खंयचें विधान बरोबर ?

(A) जी भास मनशाक सारकी उलोवंक येता तीच ताका आपली दिसता.

(B) जी भास मनशाक सारकी उलोवंक येना ती ताका केन्ना आपली दिसना.

(C) जो भास मनशाक आपली दिसता ती केन्ना केन्ना ताका सारकी उलोवंक लेगीत येना.

(D) जी भास मनशाक आपली दिसता तीच ताका सारकी उलोवंक येता.

सकयल दिल्ली कविता वाचून निचे सकल दिल्लया प्रश्नांच्यो जापो बरयात.

एक दीस तरि दिव्य दृश्टि ती
येवंचि ह्या पामरां
दिसूंक फायचीं भाग्यसुरींचीं
सूर्यकांत चित्रां
निनूंक कालचीं सस्र कळांची
काटयांवरि किसरां
एक दीस तरि गुणाक येवंची
धन्वंतरि मात्रा
देखचीं उकत्या नदरां मात्शी
अप्रुप अद्‌भूतां
धाकट्यां दुखशें कुरुक्षेत्र जंय
भायर भितर पेखता
सक्तिवंत जंय सहस्त्र भूजां
पथाक लायति रथा
धनुष्य ताणुन थिकार फायच्या
मोखलो तिर लगता
गंधफुलांनीं धांपुन मोनी
जैताची गीतां
ज्या मीर्गानी भौन हरवें
उतर तिका फुट्टा
तुकयत मानो घेवंचीं दानां भोगूं ती दैना
शिजौंक जळचें न्हय रगतांनी रायाचीं अन्नां
जिखुंक शिमो फुडल्यो निखळाया वेगिं सुखासनां
चडत जिया तेमक्योच तुमचीं दवर्णी नी पेणां
पूजन अर्चन खर कश्टांचें, मृदु सेवे भजनां
जातली तेन्ना रणां-विराणां चैत्रांतलीं आंगणां
गीतार्थाची उर्ध्व गतीची
शुभद ही संहिता
काचाबुल अर्जुनांक परथून
जीती जिवि संथा
ह्या भाग्यांनी जावंचीं चैत्री
पुनवो अंतस्तां
सस्त्र अपेसां थांबु कुंसावंचीं
एक दीस चित्तां

**71.** ‘सूर्यकांत चित्रा’ म्हळयार ______

(A) सूर्याची तेजस्वताय

(B) भाग्यवंताची दिव्यताय

(C) सूर्याचो उजवाड

(D) सूर्याची किरणां

**72.** ‘संथा दिवप’ हाचो अर्थ ________

(A) शिकवप

(B) म्हणपाक सांगप

(C) घोकून घेवप

(D) दीक्षा दिवप

**73.** अप्रुप अद्‌भुतां पळौवपाखातीर मनशाक किदयाची गरज आसा ?

(A) उकत्या नदरेची

(B) दिव्य दृश्टिची

(C) धन्वंतरी मत्रिची

(D) जैतांच्या गीतांची

**74.** वयर दिल्लया कवितेची रचणूक करणारो कवी कोण ?

(A) शंकर रामाणी

(B) पांडुरंग भांगी

(C) रमेश वेळुस्कार

(D) अभिजित

**75.** गीतार्थाची ही शुभद संहिता काचाबुल जाल्ल्या अर्जुनांक जणूं किदें ________ जावन आसा.

(A) चैत्री पुनव

(B) चैत्रातलीं आंगणां

(C) जीती जिवि संथा

(D) उर्ध्व गती

**Space For Rough Work**